प्रादेशिक खबरो

@ 7.20

रश्मि बांदोडकर 120

गोंयचे पयले मुखेलमंत्री दयानंद (भाऊसाहेब ) बांदोडकार ह्यांच्या जयंती निमतान मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी तांका पोरण्या सचीवालय वाठारात आशील्ल्या भाऊच्या पुतळ्याक आर्गा ओपली.हे शिवाय पर्वरे सचिवालय वाठारात आशील्ल्या पुतळ्याकुय मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत तशेच वीज मंत्री सुदीन ढवळीकार हांणी आर्गा ओपली.

भाऊसाहेबान गोंयात शिक्षणाखातीर केल्ले काम महत्वाचे आसा,तशेच तांचे नेतृत्व हे आयच्या तरणाट्या पिळगेक प्रेरणा दीवपी आसा अशे ह्यावेळार म्हणला.पणजे मिरामार हांगा आशील्ल्या भाऊसाहेब बांदोडकार हांच्या समाधीचे नुतनीकरणाचे काम बेगोबेग पुराय करपाच्या नदरेतल्यान काम सुरू आसा अशी म्हायती तांणी दील्या.

भाऊसाहेब हे गोंयचे भाग्यविधाते जावन आसले.गोयच्या सर्वांगीण उदरगतीखातीर तांणी केल्ले काम महत्वाचे आसा अशे ह्यावेळार मंत्री सुदीन ढवळीकार हांणी भाऊक आर्गा ओपल्या उपरांत म्हणला.

ह्यावेळार गोंय राज्याचे मुख्य सचिव वी. केन्डावेलु,उत्तर गोंय जिल्होधिकारी स्नेहा गीते,मगो पक्षाचे कार्यकर्ते,सरकारी अधिकारी तशेंच हेर कर्मचारी हाजीर आशील्ले.

दांडी रश्मि 110

महात्मा गांधीन पुकारील्ल्या दांडी मार्चाक आयज 95 वर्सां पुराय जाता.ब्रिटीश सरकारान मीठाचेर लायिल्ल्या करा आड गांधीजीन केल्लो हो सत्याग्रह आयच्या काळात लेगीत देख दीणो आसा.सध्या GST , तशेंच हेर तऱ्हेचे कर सरकारान लोकांचेर लादल्यात.हया सगळ्याआड भारतीय जनतेन लढो दीवपाची गरज आसा अशे का ॅग्रेसीचे वरीश्ठ फुडारी कार्लोस फरेरा हांणी म्हणला.ते पोरण्या गोया गोय

कॉंग्रेसीन दिंडी मार्चाक 95 वर्सां पुराय जाल्लेखातीर आयोजित केल्ल्या खासा कार्यावळीत उलयताले.ह्यावेळार कॉंग्रेसीचे फुडारी गिरीश चोडणकार,विजय भिके, एम.के शेख,तशेच सेवा दलाचे मुखूली राजन घाटे आनी कॉंग्रेसीचे कार्यकर्ते व्हडा आकड्यान हाजीर आशील्ले.

दांडी मार्चाच्या इतीहासावीशी ह्यावेळार संबंधीत फुडाऱ्यांनी उलोवप केले.तशेंच दांडी मार्चाच्या उगडासान शांतीकायेन रॅलीचे ह्यावेळार कॉंग्रेस पक्षान आयोजन केल्ले.

महात्मा गांधीजीची विचारसरणी आयच्या तरणाट्या पिळगेन आपणावची अशे मत ह्यावेळार मानेस्तांनी व्यक्त केला.

राजेश sanklim 90

सांखळी पालिखा वाठारांत प्लास्टिकचो प्रश्न सुटावो करपा खातीर साखळी पालिकेच्या वतीन येवजण्यो चालू आसा या योजनांक व्यवस्थित पालव दिवन नागरिकांनी सहकार्य करपाची गरज आसा. हे वरवीं सुंदर आनि नितळ साखळीचे सपन पुराय जावपाक मदत जातलीं अशे मत नगराध्यक्ष सिद्धी परोब हिणें उक्तायलें. पालिकां वाठारातलो कोयराचो प्रश्नाचेर पत्रकारांकडेन उलयतना सिद्धी प्रभु हांणी सांगले की साखळी पालिका वाटारातलो कोयराचे प्रश्न सुटावो करपाखातीर पालिकेन योजना आखल्या हे योजने अंतर्गत विंगड विंगड गजालींचो आसपाव या मोहिमेत समाविष्ट करून घेतला .पालिका वाठारातल्या लोकांनी पालिकेक व्यवस्थित रीतीन सहकार्य केल्यार कोयराचे प्रश्न सुटावो जावन नितळ साखळीचे सपन पुराय जातले.

Rashmi 40

2025-26 वर्सा खातीरचो अर्थसंकल्प 26 मार्चाक सभाघरात मांडटलो ,ह्या अर्थसंकल्पाचेर सध्या सरकार सभाघराच्या सभासदाकडल्यान लेखानुदान घेतलो ,जाल्यार अर्थसंकल्पाचेर चर्चा फुडल्या पावसाळी अधिवेशनात तो समंत जातलो अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.24-26 मार्च ह्या तीन दीसाच्या काळात गोंय विधानसभेचे अर्थसंकल्पीय अधिवेशन जातले.

सुभाष 90

गोंयचे नामनेचे विचारवंत आनी लेखक प्रा. डॉ. दत्ता भिकाजी नायक आयज संवसाराक अंतरले. तांची पिराय ७४ वर्सांची आशिल्ली. फाटले वर्सभर ते दुयेंत आशिल्ले. धेंपे वाणिज्य महाविद्यालयांतल्यान ते प्राध्यापक म्हूण निवृत्त जाल्ले. भारतीय संस्कृताय, धर्म, विज्ञान आनी तत्वगिन्यान तशेंच राजकारण ह्या विशयांचेर तांचो खोलायेन अभ्यास आशिल्लो. अखिल भारतीय विद्यार्थी परिशदेच्या राश्ट्रीय आनी गोंयच्या वावराकडेन सुरवाती सावन ताचो संबंद आशिल्लो. अखिल भारतीय विद्यार्थी परिशदेचो ते राष्ट्रीय उपाध्यक्ष लेगीत आशिल्ले. सद्या ते गोंयच्या कल्याण आश्रमाचे संस्थापक आनी मार्गदर्शक म्हूण काम पळयताले. हालींच ताका आंध्र प्रदेशाच्या केंद्रीय विद्यापिठान डॉक्टरेट पदवी फावो केल्ली. सांत इनेज मसण भूंयेत तांचेर निमणे संस्कार जाले.

ट्रॅफिक सुशांत 120

दुचाकी वाहन चलयतना हेल्मेट घालनाशिल्ल्यांचेर मडगांव येरादारी पुलिसांनी खर कारवाय करप सुरू केला. हेल्मेट घालनासतना दुचाकी चलोवपी ८४ चालकांचेर फाटल्या दोन म्हयन्यांत कारवाय केल्या. मडगावचे येरादारी पुलीस विभागाचे निरीक्षक संजय दळवी हांणी ही म्हायती दिली. हेल्मेटा संबंदी पुलिसांनी परत परत जागृताय मोहीम सुरू करतात तरी जायते जाण ताचे कडेन दुर्लक्ष करून हेल्मेट नासतना दुचाकी चलयतात आनी हातूंत व्हड प्रमाणांत तरणाटे आसतात अशें पुलिसांनी सांगलें. हें येरादारी नेमाचें उल्लंघन केल्यार नव्या येरादारी कायद्या प्रमाण दंडाचीय रक्कम वाडल्या. आतां हेल्मेट घालूंक नाशिल्ल्यान एक हजार रुपयाचो दंड आसा. जानेवारींत मडगांव येरादारी पुलिसांनी हेल्मेट नासतना दुचाकी वाहनांतल्यान 84 जाणांक धरून तांचेकडल्यान वट्ट ५ लाख ९३ हजार 500 रुपया दंड वसूल केला. वाहन येरादारी नेमांक पाळो दिवचो असे आवाहन मडगांव येरादारी पुलीस निरिक्षक संजय दळवी हांणी केलां.

राजेश Rotaract 40

रोटरेक्ट क्लब दिवचल, दिवचल रोटरी क्लब आनि गोंय वैद्यकीय महाविद्यालयाची ब्लड बँक हांच्या जोड पालवान आयतार 18 मार्च 2025 सकाळी साडेनऊ वरांसावन रक्तदान शिबिराचें आयोजन केला .दिवचल नगरपालिका इमारतीत जावपी रक्तदान शिबिरात रक्तदात्यांनी व्हडा संखेन सहभागी जावपाचें आवाहन आयोजकानी केला.

सुशांत तियात्र 270

गोवा तियात्र अकादेमीन १९ ते २८ मार्च हे मजगती तियात्र महोत्सव घडोवन हाडला आनी हो महोत्सव रवींद्र भवन कुडचडे आनी रवींद्र भवन वास्को ह्या दोन सुवातींनी जातलो. अशी म्हायती तियात्र अकादेमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोझा हांणी दिली. १९ ते २८ मार्च मेरेन जावपी ह्या महोत्सवांत वट्ट ८ तियात्रां सादर करतले तातूंतली तीन तियात्र कुडचडे रवींद्र भवनात तर पांच तियात्र वास्को रविंद्र भवनांत सादर जातले. हो तियात्र महोत्सव हाचे पयलीं गोंय तियात्र अकादमी आयोजीत करताली. मात मदल्या काळात तो बंद पडिल्लो. हो महोत्सव परत एक फावट जिवो केला. प्रेक्षकांक बरे तियात्र पळोवंक मेळचे म्हणून हो महोत्सव आयोजीत केला अशें बार्बोझा हांणी सांगलें.

ह्या महोत्सवाचें उक्तावण 19 मार्चाक सांजवेळा 4 वरांचेर कुडचडे रविंद्र भवनांत जातलें. कुडचडे आमदार निलेश काब्राल मुखेल सोयरे आसतले. म्हालगडो तियात्र कलाकार जुजे रोड आनी संगीतकार सिध्दांत बुयांव हे खास सोयरे आसतले. 19 मार्चाक पाश्कोल द कोस्ताच्या 'मुकूट सोर्गीचो' ह्या तियात्राचे सादरीकरण जातले. जुझे युवोन हांचो 'जोनवार' हो तियात्र, २० मार्चाक मिनिन द बांदार हांचो 'रोगोत' हो तियात्र २१ मार्चाक कुडचडे हांगा सादर जातलो. 24 ते 28 मार्च मेरेन ह्या महोत्सवातले तियात्र वास्को रवींद्र भवनांत जातले. 24 मार्चाक डॉमनिक कार्वाल्हो हांचो 'आमकां बाळगून दवर' हो तियात्र सादर जातलो. २५ मार्चाक आलेक्सीन-लॉर्ना हांचो 'बारा ब्रेस्तार तेरा सुक्रार', २६ मार्चाक कला अकादेमी तियात्र सर्तीत पयलें इनाम मेळोवपी 'डॅडीज होम', २७ मार्चाक पास्कोल द चिकाली हांचो 'आतां आमचे कितें जातलें' जाल्यार २८ मार्चाक डॉमनिक फर्नांडिस हांचो 'सायबिण माय

चुकली आमी' हो तियात्र सादर करतले. हे सगळे सादरीकरण सांजवेळा 4 वरांचेर सुरू जातले.

28 मार्चाक वास्को रवींद्र भवनांत हो महोत्सव सोंपतलो आनी येरादारी मंत्री मावीन गुदिन्हो मुखेल सोयरो आसतले, जाल्यार वास्कोचे आमदार कृष्णा साळकार आनी वास्को रवींद्र भवनाचे अध्यक्ष जयंत जाधव खाशेले सोयरे म्हणून हाजीर आसतले.

DIP40

देशाचे आदले संरक्षण मंत्री आनी गोंयचे आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांची पुण्यतिथ ता. 17 मार्च क सकाळी 9.00 वराचेर मिरामार हांगाच्या स्मृती स्थळार पाळतले. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी हेर मानेस्त मिरामार हांगाच्या सर्गेस्त मनोहर पर्रीकराच्या पुतळ्याक फुलांहार घालतले आनी समाधीचेर पुष्पांजली ओपतले.

गणेश 220

कर्मचारी भरती आयोगामार्फत जावपी ज्युनियर स्टेनोग्राफर तशेच एलडीसी पदां खातीर जावपी सीबीटी परीक्षेच्या केंद्रांची थळां जाहीर केल्या. दोनूय पदां खातीरची परीक्षा आयतारा 23 मार्चाक जातली.

ज्युनियर स्टेनोग्राफर पदा खातीरची पयली परीक्षा (सीबीटी - 2) उत्तर गोयांत दोन जाल्यार दक्षीण गोंयांत लेगीत दोन सुवातांचेर जातली. उत्तर गोंयांत आग्नेल इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नोलॉजी अॅन्ड डिझायन (आसगाव) आनी सेंट झेवीयर कॉलेज ऑफ आर्टस, सायन्स अॅन्ड कॉमर्स (म्हापसा) हांगा परीक्षा जातली. दक्षीण गोंयांत डॉन बॉस्को कॉलेज ऑन इंजीनीअरींग (फातोर्डा) आनी नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नोलॉजी (कुंकळ्ळी) हांगा ही परीक्षा जातली. सकाळी 9.15 ते सकाळी 10.30 मेरेन परीक्षा जातली. 60 मार्कांच्या पेपरा खातीर 75 मिण्टांचो वेळ आसतलो. उमेदवारांनी परीक्षा थळाचेर सकाळी 8.30 ते 9.00 मेरेन पावप आवश्यक आसा, अशें आयोगान कळीत केलां.

एलडीसी पदां खातीरची दुसरी म्हंजे सीबीटी - 3 परीक्षा पाच थळांचेर जातली. उत्तर गोयांत आग्नेल इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नोलॉजी ॲन्ड डिझायन (आसगाव) आनी सेंट झेवीयर कॉलेज ऑफ आर्टस, सायन्स ॲन्ड कॉमर्स (म्हापसा) हांगा परीक्षा जातली.दक्षीण गोंयांत डॉन बॉस्को कॉलेज ऑन इंजीनीअरींग (फातोर्डा), रोजरी कॉलेज (नावेली) आनी नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नोलॉजी (कुंकळ्ळी) हांगा ही परीक्षा जातली. ही परीक्षा सकाळी 11.30 ते 12.45 हे वेळेत जातली. उमेदवारांनी 10.45 ते 11.15 ह्या वेळेत परीक्षा थळाचेर हाजीर रावप आवश्यक आसा, अशें आयोगान कळीत केलां.एलडीसी पदा खातीरच्या सीबीटी - 3 परीक्षे खातीरची पात्रता वळेरी आयोगान हे पयलीच जाहीर केल्या. सीबीटी - 2 परीक्षेच्या निकालाचेर आधारीत आयोगान पात्रता वळेरी तयार केल्या. ॲडमीट कार्ड तशेच हेर म्हायती आयोगाच्या वेबसायटीचेर उपलब्ध आसा.

तापमान

कमाल 36.7 किमान 23.5 डिग्री सेलसीयस आर्द्रता 62 % हवामान सुके आणि धुके पतळू येता

महेश sir 70

आकाशवाणी पणजी तातपुरत्या कराराचेर कोंकणी निवेदक पदाखतीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयता. शिक्षणीक पात्रताय :: पदवी मेरेनचें शिक्षण.पिराय :: FM Rainbow खातीर 21 ते 40 वर्सा तशेंच कोंकणी वांगडा मराठी भाशेचें गिन्यान गरजेचें. अर्जा वांगडा शिक्षणीक दाखले तशेंच आधार कार्ड पॅन कार्ड आणी फोटो जोडचे.कामाच्या दिसांनी 11 ते 1 वरां मजगती तुमचे पुराय भरिल्ले अर्ज आनि परीक्षे खातीरची फी घेवन आकाशवाणी पणजी आल्तीन पणजे दिवचे. अर्ज धाडपाची निमणी तारीक:: 17 मार्च 2025 आसा. हे जागे तातपुरत्या कराराचेर आसात.

आनी इतल्यान हयो प्रदेशीक खबरो सोपलयो. आमचे मुखावेले प्रादेशिक खबरपत्र तुमका आयकुक मेळतले फालया सकाळच्या 7.25 मिनिटांचेर नमस्कार

हेड लायन्स

गोंयचे पयले मुखेलमंत्री दयानंद (भाऊसाहेब ) बांदोडकार ह्यांच्या जयंती निमतान मुखूलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी तांका आर्गा ओपली

गोंयचे नामनेचे विचारवंत आनी लेखक  प्रा. डॉ. दत्ता भिकाजी नायक आयज संवसाराक अंतरले.

दुचाकी वाहन चलयतना हेल्मेट घालनाशिल्ल्यांचेर मडगांव येरादारी पुलिसांनी खर कारवाय करप सुरू केला.

गोवा तियात्र अकादेमीन १९ ते २८ मार्च हे मजगती तियात्र महोत्सव घडोवन हाडला

कर्मचारी भरती आयोगामार्फत जावपी ज्युनियर स्टेनोग्राफर तशेच एलडीसी पदां खातीर जावपी सीबीटी परीक्षेच्या केंद्रांची थळां जाहीर केल्या